राष्ट्रीय खबरो

३०.०३.२०२६ @ 8.४० am

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- वावड्यांक बळी पडचे न्हय आनी सरकारान दिल्ले म्हायतीचेर विस्वास दवरचो असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आकाशवाणीवेल्या मन कि बात कार्यवळींत उलयताना मारला
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसाम आनी पुडुचेरीच्या पक्ष कार्यकर्त्यांक 'मेरा बूथ सबसे मजबूत, ह्या  संवादत्म्क कार्यावली वेळार 'नामो ॲप' वरवीं संबोधीत करतले
- लोकसभेत आज दिवाळखोरी आणि नादारी संहिता (सुधारणा) विधेयक, २०२५ मुखावेल्या चर्चे खातीर घेतले
- आयपीएल क्रिकेटीत, मुंबयतल्या वानखेडे स्टेडियमर काल राती जाल्या दुसऱ्या खेळात मुंबय इंडियन्सान कोलकाता नाइट रायडर्सचो स गडे राखून पराभव केलो.

आता पुराय खबरो

PM – 280

अस्तंत आशियांतली परिस्थितीक लागून आव्हानात्मक काळ निर्माण जाला  कारण हो वाठार भारताच्या ऊर्जेच्या गरजांखातीर एक मुखेल केंद्र आसा.  वावड्यांक बळी पडचे न्हय आनी सरकारान दिल्ले म्हायतीचेर विस्वास दवरचो असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आकाशवाणीवेल्या मन कि बात कार्यवळींत उलयताना मारलो.*BYTE GOVT TRUST

प्धानमंत्री मोदी हांणी भारताच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाचें जन भागीदारीतल्यान दस्ता/वेजी/करण करपाचो हेतू आशिल्ल्या ज्ञान भारतम् सर्वेक्षणाचेर भर दिलो. राष्ट्र निर्माणाची जापसालदारकी पुराय करपाक 'MY Bharat' हाची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें. प्रधानमंत्री, उदका संवर्धनाचेर उलयलें. देशाच्या जायत्या वाठारांनी गिमाची सुरवात जाल्ल्यान उदक वाचोवपाच्या संकल्पाचो पुनरुच्चार करपाची वेळ आयल्या अशें तांणी म्हळें.

टी-20 विश्वचषक सर्तींत भारताचे जैत आनी जम्मू-काश्मीरान पयलेच खेपे रणजी ट्रॉफी जिखिल्ल्याचो उल्लेख करत हाली भारतान खेळां मळार मेळयल्ल्या यशाची  तोखणाय प्रधानमंत्री मोदी हांणी केली. * T2O BYTE

ईशान्येक फुकट वीज दिवपाच्या यशाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिलो, त्रिपुराकडे  खासा लक्ष दीवन, पीएम सूर्य घर ह्या मोहिमें वरवि राज्यभर नवीकरणीय उर्जा उपायांक चालना दिवपा खातीर वेपाराच्या सतत यत्नांचे परिणाम म्हळ्यार मन कि बात अशें तानी सांगलें.

बूथ 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसाम आनी पुडुचेरीच्या पक्ष कार्यकर्त्यांक 'मेरा बूथ सबसे मजबूत, ह्या संवादत्म्क कार्यावली वेळार 'नमो ॲप' वरवीं संबोधीत करतले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी

हांणी सांगलें की फाटल्या दसकांत आसामान केल्ली प्रगती सगळ्यांक दिसता आनी राज्य सगळ्या क्षेत्रांनी उदरगतीच्या घेतील्ल्या उडये खातीर वळखतात. उदरगतीच्या वावराक लागून डबल इंजिन एनडीए सरकाराच्या आनीक पांच वर्सां खातीर लोक तयार जाल्यात अशे ताणी मुखार म्हणले

ऊर्जा 50

जगभरातल्या ऊर्जा पुरव/णीचेर परिणाम करपी भू-राजकीय परिस्थितीचो हवालो  दिवन सरकारान २१ राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशांनी भौशिक  वितरण प्रणाली अंतर्गत सुपीरियर केरोसीन तेलाच्या वितरणाक परवानगी दिवपी अधिसूचोवणी जारी केला. पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्रालयान एका अधिसूचवणेत केरोसीन-मुक्त राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशांमधल्या नियुक्त इंधन केंद्रांक घरगुती वापरा खातीर सुपीरियर केरोसीन तेलाचो साठो आणि वितरण करपाक  परवानगी दिल्या.

बंगाल 110

अस्तंत बंगालांतल्या व्हड प्रशासकीय फेरबदलांत वेंचणूक आयोगान राज्यभरांतल्या 170 पुलीस स्टेशनांचे प्रभारी अधिकार्यांक पदावेल्यान  काडून उडयल्यात; हातूंत भवानीपूर, नंदीग्राम- सारक्या म्हत्वाच्या विधानसभा मतदारसंघांचो आस्पाव जाता. मुखेल वेंचणूक अधिकारी खात्याच्या शिफारशींच्या आदाराचेर आयोगान वट्ट एकशे chavryayshi  पुलीस अधिकाऱ्यांची बदली आनी पद/स्थापनां/च्या फेर/रचनेक मान्यताय दिल्या-हातूंत 11 उंचेल्या पांवड्यावेले अधिकारी आसात. हो  प्रशासकीय फेरबदल उत्तर बंगाल ते दक्षिण बंगाल मेरेन राज्यभर पातळला आनी ताचो परिणाम कूच बिहार, अलीपूरद्वार, मालदा, मुर्शिदाबाद, उत्तर आनी दक्षिण 24 परगना, हावड़ा, हुगली, आनी उदेंत आनी अस्तंत मिदनापूर ह्या जिल्ह्यांचेर पडता. तशेंच कोलकाता पुलीस आयुक्तालया अधिकार क्षेत्रांत कितल्याशाच पुलीस स्टेशन अधिकाऱ्यांची बदली जाल्या. मुक्त आनी  निष्पक्ष वेंचणूक घेवपाचे प्रक्रियेंत कसलोच हल/गर्जी/पणा सोंसचे ना असो स्पश्ट निर्देश वेंचणूक आयोगान जारी केला.

लोकसभ 60

लोकसभेत आज दिवाळ/खोरी आणि नादारी संहिता (सुधारणा) विधेयक, २०२५ मुखावेल्या चर्चे खातीर घेतले . या विधेयकाचो उद्देश दिवाळ/खोरी आणि नादारी संहिता २०१६ त आनीक सुधारणा करप हो आसा. कंपनी आणि व्यक्तींमधलो प्रक्रिया/त्मक कळाव आणि अर्था/संबंधीच्यो समस्या पयस करपाचो हो या विधेयकाचो प्रयत्न आसा. देशाक डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकीपणापासून मुक्त करपाच्या प्रयत्नांचेरूय सभागृहात चर्चा जातली. राज्यसभेत केंद्रीय सशस्त्र पोलीस दल (सामान्य प्रशासन) विधेयक, २०२६ विचारा खातीर आणि मंजुरी खातीर घेतले.

OIL 70

देशभरांतल्या सगळ्या पेट्रोल पंपांचेर पेट्रोल आनी डिझेलाचो फावो तो सांठो आसा अशें सरकारान सांगलां, आनी लोकांनी वाव्ड्याचेर विस्वास दवरचो न्हय असो सल्लो परत दिला. गिरायकांक आदार दिवपा खातीर पेट्रोलियम आनी डिझेलाचेर, दर लिटराक 10 रुपया उत्पादन शुल्क उणो केला अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां. तशेंच देशांतली उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर एव्हिएशन turbine इंधनाचेर

निर्यात शुल्क लायला. देशांतर्गत घरगुती एलपीजीची पुरवण सामान्य आसा, दर दिसा panchavn लाखां वयर सिलिंडर वितरित जातात अशें मंत्रालयान सांगलां.

क्रिकेट 20

आयपीएल क्रिकेटीत, मुंबयतल्या वानखेडे स्टेडियमर काल राती जाल्या दुसऱ्या खेळात मुंबय इंडियन्सान कोलकाता नाइट रायडर्सचो स गडे राखून पराभव केलो.

वेदर 40

भारतीय हवामान खात्यान दिल्ली, चंडीगढ, हरियाणा, उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र, पंजाब आनी उत्तराखंड हांचे खातीर 'ऑरेंज अलर्ट' जारी करून गडगड आनी गारांचे वादळ येवपाची शक्यताय उक्तायल्या. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज मराठवाडा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.

आत खबरो सोपोव्चे पयली परत एक फावत काय मुखेल खबरो

- वावड्यांक बळी पडचे न्हय आनी सरकारान दिल्ले म्हायतीचेर विस्वास दवरचो असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आकाशवाणीवेल्या मन कि बात कार्यवळींत उलयताना मारला
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसाम आनी पुडुचेरीच्या पक्ष कार्यकर्त्यांक 'मेरा बूथ सबसे मजबूत, ह्या संवादत्मक कार्यावली वेळार 'नामो ॲप' वरवीं संबोधीत करतले
- लोकसभेत आज दिवाळखोरी आणि नादारी संहिता (सुधारणा) विधेयक, २०२५ मुखावेल्या चर्चे खातीर घेतले
- आयपीएल क्रिकेटीत, मुंबयतल्या वानखेडे स्टेडियमर काल राती जाल्या दुसऱ्या खेळात मुंबय इंडियन्सान कोलकाता नाइट रायडर्सचो स गडे राखून पराभव केलो.